**वाहन परवान्यांच्या वैधतायेची मुजत वाडयली**

ता. 31 मार्च 2021

सरकारान देशांत कोवीड म्हामारीचो प्रसार टाळपाखातीर लागू केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांच्या फाटभूंयेर येरादारी मंत्रालयान मोटार वाहन कायद्याखाला जारी केल्ल्या ज्या फिटनेस, परमीट, वाहन चलोवपाचो परवानो, नोंदणी वा हेर संबंदीत दाखल्यांची वैधताय 1 फेब्रुवारी 2020 सावन सोपल्या वा 30 जून 2021 मेरेन सोपपाची आसा अशें दाखलें 30 जून 2021 मेरेन वैध धरतले. येरादारी विभागाच्या कार्यालयांनी परवान्यांचे नुतनीकरण करपाखातीर जावपी लोकांची गर्दी टाळपाखातीर केंद्रीय येरादारी मंत्रालयान परवान्यांच्या वैधतायेची मुजत वाडयल्या आनी सगळ्या राज्यांक आनी संघप्रदेशांक ह्या आदेशाची अंमलबजावणी करपाक सांगला.

हे आदी मंत्रालयान ही मुजत 31 मार्च 2021 मेरेन वाडयल्ली, पुण कोवीड संकटाच्या काळांत लोकांक परवान्यांचे नुतनीकरण करपाक अनेक अडचणींक तोंड दिवचें पडले आनी वाडोवन दिल्ल्या मुजतीत नुतनीकरण करप शक्य जाले ना आनी ही परिस्थिती लक्षात घेवन अशां परवान्यांची वैधताय वाडयल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/364